# प्लास्टिक तांदळां विशीं नागरी पुरवण खात्याचो खुलासो

ता. 20 ऑक्टोबर 2023

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान फॉर्टीफायड तांदळां विशीं स्पश्टीकरण जारी केला. सवाय धान्य दुकानांतल्यान "प्लास्टिक तांदूळ" वितरीत करतात, अशी चुकीची म्हायती सोशल मीडियाचेर व्हायरल जाल्या आनी कांय थळाव्या खबरापत्रांनीय उजवाडाक आयल्या, ते खातीर हो खुलासो केला.

अन्नांतल्यान लोकांक पुश्टीक आहार आनी व्हिटामिन्स मेळची हे खातीर सरकारावतीन सवाय धान्य दुकानांतल्यान फॉर्टीफायड तांदुळ वितरीत करपात येता. फॉर्टीफायड तांदळांत व्हिटॅमिन बी 12, फॉलिक ॲसिड , लोह आनी तांदळाचो पावडर आसता. शिजयिल्ल्या शितांत 80% स्टार्च आनी कार्बोहायड्रेटचे प्रमाण आसता. तशेंच तातूंत चिकटपणा आसता. पुण हे तांदूळ प्लास्टिकचे नासता.

फॉर्टीफायड तांदूळ साठोवन दवरपाक येता, रूचीक लागता आनी सदच्या तांदळां प्रमाण शिजोवपाक येता. ते खातीर लोकांनी वावड्यांचेर विस्वास दवरून गैरसमज करून घेवचो न्हय, अशें नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/827

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.